# परीक्षेच्या काळात कुजीरा शिक्षणीक प्रकल्पात पार्किंग वेवस्था

ता. 27 फेब्रुवारी 2017

बांबोळेच्या कुजीरा शिक्षणीक प्रकल्पात मार्च म्हयन्यात जावपी शालांत आनी उच्च माध्यमिक मंडळाच्या परीक्षेच्या काळात गोंय येरादारी पुलीस यंत्रणेन बांबोळेच्या ॲथलेटीक स्टेडियमाच्या जागेत वाहनांखातीर पार्किंग वेवस्था केल्या.

भुरग्यांक सोडलेउपरांत पालकांनी वाहनां थारावीक जागेत पार्किंग करपाची. पालकांनी आपली वाहनां शिक्षणीक प्रकल्पातल्या रस्त्यांच्या कडेन पार्किंग करची न्हय. तशेंच पालकांनी परीक्षा केंद्रांच्या मुखेल गेटीकडेन गरज नासतना गर्दी करची न्हय आनी सुरळीत येरादारीखातीर मदत करची, अशें येरादारी पुलीसानी पालकांकडेन मागला.